## मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं गोवा सरस प्रदर्शनाचे उक्तावण

ता. 21 डिसेंबर 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल कांपाल मैदानाचेर उत्तर गोंय जिल्हा ग्रामीण विकास एजन्सीन ग्रामीण विकास खात्याच्या जोड पालवान आयोजीत केल्ल्या गोवा सरस-2022-23 ह्या ग्रामीण आप मजत गटांच्या उत्पादन विक्री प्रदर्शनाचे उक्तावण केले.

सरस ह्या सरकाराच्या उपक्रमा वरवीं ग्रामीण वेवसायिक आनी कारागीरांक आपल्या उत्पादनांच्या विक्रीखातीर मार्केटिंग सुविधा उपलब्ध करून दिवपात येता. भारत सरकाराचे सहकार्य आशिल्ल्या सरस प्रदर्शनाचे प्रत्येक वर्सा आयोजन करतात. प्रदर्शनात हस्तकला, हातमाग आनी हेर कारागीरीची उत्पादनांची विक्री जाता. प्रदर्शनात गोंयच्या आप मदत गटांसयत देशाच्या विंगड विंगड राज्यांतल्या कारागीरांच्या हस्तकला, हातमाग, रेडीमेड कपडे, तागाच्यो पिशव्यो, दागिने, वखदीं उत्पादनां, मातयेची भांडी आनी हेर विविध उत्पादनांची स्टॉल्स आसात.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्र्यान सरस विक्री-प्रदर्शन हे देशाक स्वदेशी आनी आत्मनिर्भरतेच्या प्रगतीकडेन व्हरपाचो उपक्रम आशिल्ल्याचे सांगलें. ह्या विक्री-प्रदर्शना वरवीं गोंय राज्यांतल्या वेवसायिकांक आनी खास करून आप मजत गटांच्या महिलांक प्रोत्साहन मेळटा. तशेंच देशाच्या हेर राज्यांतल्या कारागीरांकडल्यान नवीन कुशळटाय शिकपाची संद मेळटा, अशें सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान सरस विक्री-प्रदर्शन आयोजनाखातीर डीआरडीए आनी ग्रामीण विकास खाते तशेंच प्रदर्शनात सहभागी जाल्ल्या आप मजत गटांची तोखणाय केली आनी लोकांनी तेशेंच पर्यटकांनी गोवा सरस प्रदर्शनाक भेट दिवन खरेदी कपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार उपस्थितांमदी जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. सिद्धेश नाईक, सचीव (ग्रामीण विकास) श्री. मेनिनो डिसोझा आनी हेरांचो आस्पाव आशिल्लो.

उत्तर गोंय जिल्हा ग्रामीण विकास एजन्सीचे प्रकल्प संचालक श्री. भूषण सावईकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो जाल्यार दक्षीण गोंय जिल्हा ग्रामीण विकास एजन्सीचे प्रकल्प संचालक श्री प्रवीण बरड हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/803

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji